२८-११-२०२५

सकाळी - ७.२५

प्रादेशिक खबरो

प्रधानमंत्री आयज गोंयांत

श्री संस्थान गोकर्ण पर्तगाळ जिवोत्तम मठाच्या 550व्या वर्सपूर्ती निमतान आयज 28 नोव्हेंबराक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी रामाच्या पुतळ्याचे अनावरण करतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, पर्तगाळ मठाच्या केंद्रीय समितीचे अध्यक्ष श्रीनिवास धेंपो, हेर मंत्री आनी मानेस्त सुवाळ्याक हाजीर रावतले. दनपार उपरांत जावपी सुवाळो सगळ्या लोकांक उक्तो आसतलो. हे निमतान पर्तगाळी मठात 7 डिसेंबर मेरेन तरेकवार कार्यावळी जातल्यो. दनपारा दाबोळी सावन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी थेट पर्तगाळी मठात वतले. पर्तगाळी मठात पुतळ्याचे अनावरण केले उपरांत ते परत दिल्ली वतले. मठाच्या 550व्या वर्सानिमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी 550 रूपयांचे नाणे जारी करतले. नाण्याचे वजन 35 ग्रॅम आसा. उत्तर गोंयांत पणजेत परशुरामाचो पुतळो सरकारान उबारला. आता काणकोणा 77 फुट उचायेचो रामाचो पुतळो जातलो. हाका लागून आध्यात्मिक पर्यटनाक उर्बा मेळटली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें इप्फीचो समारोप सुवाळो साडेपाच वराचेर जातलो. ह्या दोनुय कार्यावळीक गोयकारांनी व्हडा आकडयान हाजेरी लावची अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

**cmसनद -** 130

६० दिसात मेळपी जमनिची सनद आता पंचेचाळीस दिसाभितर दिवपाचो निर्णय काल जाल्ल्या मंत्रिमंडळ बसकेत घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. गोंय जमिन आनी महसुल कायद्यात बदल केल्या उपरात हो निर्णय सरकार बेगीनुच अधिसुचित करतले अशी म्हायती तांणी बसेक उपरात घेतिल्लया पत्रकार परीशेदवेळार दिल्या.

**Byte- cmसनद**

हे शिवाय गोंयच्या खण वेवसायात आशिल्लया ट्रक धनयांक 2 वर्साखातीर रस्तो कर माफ केला अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिल्या. गोवा पशु/चिकीत्सा विद्यालयात लागपी 23 विभागातली १८५ पदां खातीर काल मंत्रिमंडळान मंजुरी दिल्या.Byte mining

जन विश्वास- 50

जन विश्वासाच्या नेमाप्रमाण गोंयातल्या 28 कायद्यात जातुन बंदखणींची ख्यास्त आशील्ली,ते बदलुन आता ह्या नेमांचे उल्लंघन केल्यार अर्थिक दंड दीवपाचो निर्णय गोंय सरकारान घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी दील्या. केंद्र सरकारान हो नेम चालीक लायला.हे फांटभुयेर गोंय सरकारान लेगीत राज्यातल्या संबंधित 28 कायद्यात बदल केला अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. Byte cm जन
इफ्फी 140

गोंयच्या पणजीत जाल्ल्या भारताच्या शाप्प्नाव्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवांत गोंयचे मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी आयज नामनेचे सिनेमाटोग्राफर आनी फिल्म निर्माता के.वैकुंठ यांच्या सन्मानार्थ एक स्मारक टपाल तिकिट जारी केले. गोंयचो सिनेमा कडेन संबंद येवचे पयलीं लेगीत के. वैकुंठ हानी चित्रपटसृष्टीर एक छाप सोडली अशे हे वेळार उलयताना मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हानी म्हणाले.ते एक असो मनीस, जाच्या कॅमेऱ्यान क्लासिक भारतीय चित्रपटाची दृश्य भाषा आकारली अशे तानी म्हळे. वैकुण्ठ हांच्या खाशेल्या शैलींत भव्यता आनी सौम्य, सूक्ष्म मनशाच्यो भावना अशे दोनूय प्रकार टिपल्यात अशें तांणी फुडें सांगलें. **Byte**

हवामान40

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडात चड तापमान चवतीस डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यात उणे तापमान एकोणतीस पूज्य आठ डिग्री

सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यत हवामान सुकें उरपा संयत सकाळच्या वेळार धुकें पाताळपाची शक्यताय खात्यान उक्तायला .

एएफसी - ५०

आयज गुजरातात, एएफसी १७वर्सा पिराय सकयल्ल्या आशियाई कप सौदी अरेबिया २०२६ पात्रताय फेरीयेच्या गट डीच्या खेळात भारत लेबनॉन पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ सांजे ७.३०क जातलो.

भारत सध्या चार गुणांसयत गट डी त दुसऱ्या सुवातेर आसा. फकत गट जैतीवंत पंगडूच फुडल्या वर्सा जावपी एएफसी १७वर्सा पिराय सकयल्ल्या आशियाई कप सौदी अरेबिया सर्तीखातीर पात्र थारतले.